पिकी पिकी काजुले

कोंकणी विभाग
पार्वतीबाई चौगुले महाविद्यालय
मडगांव गोंय

19 वर्स अंक 01

जुलय 2026

उमेदींत लिकलिकत, आयले चोंब्यानी काजुले
आंगानआंग पर्जळ्ळे कोंकणी साहीत्याचे मळे.

तुमकां दर एका पावलाक मदत करपाक आमचे शिक्षक आनी आमचें महाविद्यालय तयार आसा.

नवें शिक्षणीक वर्स, नवी सुरवात! आमच्या व्हायब्रंट कॉलेजीच्या कोंकणी विभागांत तुमकां येवकार. तुमकां हांगा पळोवन तशेंच तुमच्या फुडल्या खुशालकायेच्या प्रवासांत एक भाग जावपाक आमी सगलीं खूब खोशी जाल्यांत. तुमच्या येसस्वीपणाक परबीं. सगळ्यांत पयलीं ह्या कॉलेजीच्या कोंकणी विभागांत प्रवेश घेतिल्ले खातीर परबीं! तुमी हांगा पावपाक खूब कश्ट घेतल्यात आनी आमकां तुमचो अभिमान आसा. आमच्या कॉलेजीच्या कुटुंबांत तुमकां येवकार. आमच्या कॉलेजींत पांय घालता म्हणसर तुमी फकत विद्यार्थी न्हय - तूमी आमच्या कुटुंबाचो एक भाग! आमी तुमकां आदार दिवपाक, तुमकां मार्गदर्शन करपाक, आनी तुमकां एक खेरीत व्यक्ती जावपाक मदत करपाक हांगा आसात. फुडें कितें करपाचें, हें नवें शिक्षणीक वर्स एक अविश्वसनीय प्रवास जावपाचें आसा! तुमी नव्यो गजाली शिकतले, जीवितभर सांगात दिवपी इश्ट जोडटले, आनी तुमच्यो आवडट्यो गजाली सोदून काडटले. तुमकां दर एका पावलाक मदत करपाक आमचे शिक्षक आनी महाविद्यालय तयार आसा.

"***शिकप म्हणल्यार फकत गुण मेळोवप न्हय; शिकप म्हणल्यार स्वतःक दर दिसा थोडें-थोडें विकसीत करत रावप." आनी... "सपनां तींच खरीं, जीं तुमकां रातभर जागयतात आनी दीसभर खर कश्ट करपाक प्रेरणा दितात." म्हणून व्हडलीं सपनां पळयात, पूण तीं पूर्ण करपाक प्रामाणिकपणान खर कश्ट करात.***

भास आनी साहित्य विभागाचो डीन म्हणून हांव एक गजाल सांगूंक सोदतां– भास फकत उतरांची रचना न्हय; तर आमचीं मनां जोडपी एक पूल आसा. साहित्य आमकां दुसऱ्यांच्यो भावना समजून घेवपाक, वेगळ्या वेगळ्या संस्कृतायांचो आदर करपाक आनी संवेदनशील मनीस जावपाक शिकयता.

मोगाळ विद्यार्थ्यांनो, कदाचित कांय वर्सांनी तुमी परीक्षेचे गुण विसरतले, पूण तुमच्या इश्टांचो सांगात, शिक्षकांचें मार्गदर्शन, कॉलेजींतले खुशालकायेचे खिण आनी ह्या परिसरांत आयिल्ले अणभव तुमी केन्नाच विसरचे नात.

एक सुंदर कोंकणी विचार: "ज्ञान ही एक अशी संपत्ती आसा, जी जितली वांट्टात तितली वाड्टा."

म्हणून शिकात, प्रश्न विचारात, एकमेकांक आदार करात, आनी जिवितभर शिकत रावात.

आमचो विभाग जायत्यो कार्यावळी आयोजीत करतलो. हातूंत तुमी वांटो घेवंचो. आमच्या कॉलेजीच्या कार्यावळींनी, क्लबांनी वांटो घेवपाक आमी तुमकां प्रोत्साहन दितात. नवे इश्ट जोडपाचो, नवी कुशळटाय वाडोवपाचो, आनी मजा करपाचो हो एक बरो मार्ग. तुमकां शक्ती आनी ताकत आमच्या महाविद्यालयांत मेळटली. याद दवरात, तुमचे कडेन ती आसा! तुमी व्हड व्हड गजाली साध्य करपाक सक्षम आसात. स्वताचेर विस्वास दवरात, कश्ट करात आनी तुमच्या ध्येयां कडेन एकनिश्ठ रावात. तुमी आमकां हांगा मेळिल्ल्यान आमी खूब खोशी आसात आनी तुमी फुलतात तें पळोवपाची आस्त बाळगितात. फुडें येवपी एक अद्भुत वर्स जावचें! नवी सुरवात, नवी इश्टागत, आनी नव्या कामगिरी खातीर तुमकां सगल्यांक शुभेच्छा! पयल्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांक येवकार!

गुणाजी सदानंद देसाय
कोंकणी विभाग मुखेली

<u>संपादक मंडळ:</u>

संकलन - विकीशा फडते आनी ओमकार गांवकार

मार्गदर्शक – गुणाजी सदानंद देसाय

<u>भितरल्या पानार</u> -

1. विभागांत ह्या वर्सा रुजू जाल्ल्या शिक्षकांची वळख.

2. पयल्या वर्साच्या विद्यार्थ्यांक येवकार

विभागांत ह्या वर्सा रुजू जाल्ल्या शिक्षकांची वळख

विकीशा विनायक फडते

विकीशा विनायक फडते हांचो जल्म होडर, कुडचडें - गोंय हांगा जालो. तांणे कोंकणी विशय घेवन एम.ए, बी.एड. मेरेचें शिक्षण पुराय केलां. तांकां कविता बरोवपाक तशेंच पुस्तक परिक्षण बरोवपाची आवड आसा. तांच्यो कांय कविता आनी कांय पुस्तक परिक्षणां "भांगरभूंय" ह्या दिसाळ्यांत उजवाडाक आयल्यात. त्या भायर गोंयातले वेगवेगळे "लोकनाच" जशें देखणी, कुणबी नाच, फुगडी, धालो हे लोक नाच सादर केल्यात आनी सादर करता. गोंयांतल्या "लोकरंग कुडचडे" ह्या सांस्कृतीक संस्थेचे तें वांगडी आसा. ह्या संस्थेखाला तांणें गोंयांत तशेंच गोंयां भायर लेगीत लोकनाच सादर केल्यात. गोंय कला आनी सांस्कृतीक संचालनालयाचे वतीन उदयपूर, बिकानेर - राजस्थान, झारखंड ह्या राज्यांनी लोकनाच सादर केल्यात. त्या भायर तांकां खुबश्या कडेन नाचाचे परिक्षक म्हूण आपयतात.

विकीशा विनायक फडते

सहाय्यक प्राध्यापक

ओमकार अनंत गांवकार

ओमकार गांवकार हे शिरवय केपें हांगा रावपी. तांणी कोंकणी विशय घेवन एम.ए. आनी बी.एड. मेरेन शिक्षण पुराय केलां. तशेंच गोंय शिक्षक पात्रताय GTET परिक्षा काल उतीर्ण केल्या. तांकां कविता, कथा तशेंच पुस्तक परीक्षण लेखनाची आवड आसा. दिसाळ्यांनी तांची कविता आनी कथिका प्रकाशित जाल्यांत. 2019 वर्सा बारावेच्या परिक्षेंत श्रीमती चंद्रभागा तुकोबा नायक उच्च माध्यमिक विद्यालयांत डिस्टिंक्शन, 2022 वर्सा सरकारी म्हाविद्यालय केपेंच्या कोंकणी विभागांत पयलो क्रमांक, 2025 वर्सा गोंय विद्यापिठाच्या, कोंकणी अध्ययन शाखा शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाळा हांणी घडोवन हाडिल्ले चवथे युवा कोंकणी कथा संमेलनाचो पयलो इनाम, अनघा वाचासुंदर प्रतिष्ठान हांणी घडोवन हाडिल्ल्या निबंद लेखन सर्तींत तिसरे इनाम, तशेंच हेर सर्तींनी इनामां फावो जाल्यात. 2025 वर्साची कोंकणी साहित्य अकादमीची शिश्यवृती फावो जाल्या. राज्य आनी राष्ट्रीय स्तरार घडिल्ल्या कार्यशाळांनी आनी परिसंवादांनी वांटो घेतला.

ओमकार अनंत गांवकार

सहाय्यक प्राध्यापक

कोंकणी विभागांतल्या 2026-27 वर्साच्या विद्यार्थ्यांची वळख

ॲना रॉड्रिगीस

म्हजें नांव ॲना रॉड्रिगीस. बापायचें नांव जोसेफ आंतोनियो रॉड्रिगीस आनी आवयचें नांव फ्लोसी रॉड्रिगीस. म्हजें माध्यमीक शिक्षण लोटली हांगाची सेवियर ऑफ द वर्ल्ड हायस्कूल हांगा जाल्यार उच्च माध्यमीक शिक्षण राया हांगाच्या व्हीआरडीएची गांवकर उच्च माध्यमिक विद्यालय हांगासर जाला. म्हाका पुस्तकां वाचपाक आवडटात. हांवें चौगुले महाविद्यालयांत प्रवेश घेवपाचें कारण म्हाका तांचो अभ्यासक्रम, हांसतें- खेळतें शिक्षणीक वातावरण, बरी शिक्षणीक प्रतिश्ठा, आनी अणभव आशिल्ले प्राध्यापक मार्गदर्शन करपाक लाभतले अशीं अपेक्षा आसा.

रुचिता नायक

म्हजें नांव रुचिता नायक. म्हज्या बापायचें नांव राजेश नायक आनी म्हज्या आवयचें नांव रोशनी नायक. हांव रुमडामळ हावजींग बोर्ड हांगा रावता. म्हाका एक भाव आसा. हांवें म्हजें माध्यमीक शिक्षण सरकारी हायस्कूल दवर्ली हांगा केला. उपरांत इकरावी आनी बारावी मेरेनचें शिक्षण रोझरी उच्च माध्यमीक विद्यालय नावेली हांगा पुराय केलें. म्हाका धाव्वेक 82% आनी बारावेक 91% गूण मेळ्ळ्यात. म्हाका चित्रकला आवडटा. हांवें चौगुले कॉलेजींत प्रवेश घेतलो कारण हांगा म्हाका समाजशास्त्र हया विशयांत पदवी मेळोवन उच्च माध्यमीक विद्यालयाची शिक्षिका जावपाक जाय.

सर्वेश तोरास्कर

म्हजें नांव सर्वेश वि तोरास्कर. आवयचें नांव रुद्राक्षी वि तोरास्कर आनी बापायचें नांव विवेकानंद वि तोरास्कर. म्हजें माध्यमीक शिक्षण भाटीकर मॉडेल हायस्कूल हांगा आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण सरकारी बहुउद्देशीय उच्च माध्यमिक विद्यालयांत जालां. हांव रुमडामळ हाउसिंग बोर्ड नावेली रावता. म्हाका खेळाची आवड आसा. चौगुले म्हाविद्यालयांत पदवी तशेंच ज्ञान मेळोवपा खातीर प्रवेश घेतला.

अवनी देसाय

म्हजें नांव अवनी देसाय. बापायचें नांव नितेश देसाय आनी आवयचें नांव सायुकता देसाय. म्हजें माध्यमिक शिक्षण फातिमा कॉन्व्हेंट हायस्कूल, मडगांव हांगा जाला जाल्यार उच्च माध्यमिक शिक्षण रोजरी उच्च माध्यमिक विद्यालय, नावेली हांगा जाला म्हाका वाचनाची, नाचपाची, आनी रांदपाची आवड आसा. चौगुले म्हाविद्यालयांत प्रवेश घेवपाचें कारण कॉलेजीचो कॅम्पस म्हाका आवडलो. हें एक नामनेचें म्हाविद्यालय आसा हाची जाण म्हाका म्हज्या मम्मान आनी खुबश्या सोयऱ्यांनी करुन दिल्ली.

कोंकणी विभागांतल्या 2026-27 वर्साच्या विद्यार्थ्यांची वळख

अनुजा पै आंगले

म्हजें नांव अनुजा रतीश पै आंगले. म्हज्या बापायचें नांव रतीश रामनाथ पै आंगले आनी म्हज्या आवयचें नांव श्रध्दा रतीश पै आंगले. हांव लकाकी, नावेली रावतां. म्हजो बापूय इलेक्ट्रीशियन आनी आवय घरकान्न. हांवें म्हजें माध्यमीक शिक्षण दामोदर इंग्लीश हायस्कूल गुडी - पारोडा हांगा पुराय केलां. उपरांत इकरावी आनी बारावी मेरेनचें शिक्षण लोयोला उच्च माध्यमीक विद्यालय मडगांव हांगा पुराय केलें. म्हाका धाव्वेक 67% आनी बारावेक 65% गूण मेळ्ळ्यात. म्हज्यो आवडी म्हणल्यार, वाचप आनी विणकाम करप. हांवें चौगुले कॉलेजींत प्रवेश घेतलो कारण हांगा बरें शिक्षण मेळटा आनी हेर वेगळ्यो वेगळ्यो कार्यावळी जातात.

रोहन नाईक

म्हजें नांव रोहन नाईक. बापायचें नांव प्रसाद नाईक आनी आवयचें नांव पुजा नाईक. हांव बोर्डा हांगा रावतां. म्हजें उच्च माध्यमीक शिक्षण सेंट ऍलॅक्स उच्च माध्यमिक विद्यालयांत जालां. धाव्वेच्या परिक्षेत 50% जाल्यार बारावेक 56% टक्के गूण मेळ्ळ्यात. म्हाका संगीत वाद्यां वाजोवपाक, फुटबॉल खेळपाक तशेंच चित्रकलेची आवड आसा. हांवें चौगुले महाविद्यालयांत प्रवेश घेवपाचें कारण म्हणल्यार म्हाका हांगा बरें शिक्षण मेळटलें आनी म्हज्या गिन्यानांत भर पडटली. तशेंच शिक्षकांकडल्यान योग्य मार्गदर्शन मेळटलें अशी अपेक्षा आसा. म्हाका पुलीस ऑफिसर जावपाचें आसा.

सानिका पेडणेकार

म्हजें नांव सानिका हेमंत पेडणेकार. म्हज्या बापायचें नांव हेमंत पेडणेकार आनी आवयचें वंदना पेडणेकार. हांव फातोर्डा रावता. म्हजें बारावे मेरेनचें शिक्षण प्रेजंटेशन कोन्वेंट उच्च माध्यमीक विद्यालयांत जालां. म्हाका खेळपाक आवडटा. पुलीस ऑफीसर जावपाची इत्सा आसा. पार्वतीबाई चौगुले म्हाविद्यालयांत भुरग्यांच्या सर्वांगीण विकासाचेर भर दितात ही अपेक्षा पूर्ण जावची म्हण ह्या म्हाविद्यालयांत प्रवेश घेतला.

कोंकणी विभागांतल्या 2026-27 वर्सांच्या विद्यार्थ्यांची वळख

प्रथमेश कारापुरकार

म्हजें नांव प्रथमेश कारापुरकार. म्हज्या बापायचें नांव दिलीप कारापुरकार आनी म्हज्या आवयचें नांव सोनाली कारापुरकार. हांव आकें मडगांव रावतां. म्हजी आवय घरकान्न आनी आमचो प्रिंटींग प्रेस आसा थंय म्हजो पप्पा काम करता. हांव तांचो अपुरबायेचो एकटोच चलो. म्हाका भोंवपाक आनी खेळपाक खूब आवडटा. हांवें म्हजें माध्यमीक शिक्षण सेंट जोसफ हायस्कूल, आकें मडगांव पुर्ण केलां. उपरांत इकरावी आनी बारावी मेरेनचें शिक्षण रोझरी उच्च माध्यमीक विद्यालय नावेली पुराय केलें. म्हाका धाव्वेक 78% आनी बारावेक 80% गुण मेळ्ळ्यात. हांवें चौगुले कॉलेजींत प्रवेश घेतला कारण म्हाका पर्यावरण आनी जनावरांची खूब आवड आसा. आनी फुडें हांव ह्या क्षेत्रांत मुखार सरतलों.

चेल्सी डा सील्वा

म्हजें नांव चेल्सी डा सील्वा. म्हज्या बापायचें नांव पिटर डा सीलवा आनी आवयचें नांव लवीना मास्कारेन्हस. हांव नाग्वा वाठारांत रावतां. म्हजें धावे मेरेनचे शिक्षण फादर अग्नेल मल्टीपर्पज माध्यमिक विद्यालय, वेर्णा जाल्यार बारावे मेरेनचें शिक्षण कार्मेल उच्च माध्यमिक विद्यालय, नुवें जालां. म्हाका धावेक 70 टक्के जाल्यार बारावेक 60 टक्के गूण मेळ्ळ्यात. म्हाका संगीत वाद्यां वाजोवपाक आवडटात. नामनेची कॉलेज आनी इंग्लिश आनी कोंकणी विशयांतल्यान फावो तें ज्ञान मेळटलें ह्या आशेन पार्वतीबाई चौगुले म्हाविद्यालयांत हांवें प्रवेश घेतला.

वलंका फॅर्नांडीस

म्हजें नांव वलंका फॅर्नांडीस. म्हज्या आवयचें नांव वेन्सी फॅर्नांडीस आनी बापायचें नांव आंतोनियो फॅर्नांडीस. म्हाका गावपाक, क्रोशे तशेंच शिवपाची आवड आसा. हांवें धावे मेरेनचे शिक्षण पर्पेच्युअल सुक्कोर कोनवेंट उच्च माध्यमीक विद्यालय आनी बारावे मेरेनचें शिक्षण रोजरी उच्च माध्यमीक विद्यालय, नावेली पूर्ण केलां. म्हाका मानसशास्त्र सल्लागार (counsellor) जावपाक जाय आनी म्हाका जाय तश्यो संदी हांगा मेळटल्यो म्हणून पार्वतीबाई चौगुले म्हाविद्यालयांत हांवें प्रवेश घेतला.